Panaji National 21st March 2025 8.40am

- विकसित भारताच्या उभारणीच्या दिकेन पयले पावल म्हणून गावांचो विकास करपाची गरज आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी अधोरेखित केला.

- भारतीय जनता पक्षान आपल्या खासदारांक व्हिप जारी करून आज लोकसभेंत हाजीर रावपाचे निर्देश दिल्यात.

- संरक्षण मंत्रालयान 54 हजार कोटी रुपयांची लश्करी आनी हवाई संरक्षण उपकरणां खरेदी करपा खातीर मान्यताय दिल्या.

- ४५० अब्ज डॉलर्सचे सेवा निर्यात लक्ष्य साध्य करपाखातीर सरकार आणि माहिती तंत्रज्ञान क्षेत्राकडल्यान सामूहिक वचनबद्धतेचे आवाहन वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी केला.

- पेन्शन निधी नियामक आनी उदरगत प्राधिकरण-पीएफआरडीएन एकीकृत पेन्शन येवजण-यूपीएस चालीक लावपा खातीर नेम जारी केल्यात.

- कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटनेन (ईपीएफओ)न अंदू जानेवारींत 17 लाख 89 हजार वांगडी जोडले.

- आज SRFI इंडियन टूर २०२५ स्क्वॅशच्या फायनलींत आयज भारताची आकांक्षा सलुंखे आनी भारताची अनाहत सिंग हांचे मदीं खेळ जातलो.

PM – 80

विकसित भारताच्या उभारणीच्या दिकेन पयले पावल म्हणून गावांचो विकास करपाची गरज आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  यांनी अधोरेखित केला. गुजरातांतल्या भरवड समाजाच्या बावलियाली धामांत जाल्ल्या कार्यावळी वेळार व्हिडियो संदेशांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सामुहीक यत्नाच्या म्हत्वाचो उल्लेख केलो. समाजांक सशक्त करपा खातीर शिक्षणांत अत्याधुनीक पद्दतींचें म्हत्व प्रधानमंत्र्यानि उक्तायलें. मोदी हाणी  चले, आनी खास करून चलयांक शिक्षणीक मळार उत्कृश्ट कामगिरी करपाक आनी घटमूट समाजाच्या निर्मितीत योगदान दिवपाचे आवाहन केले. भरवड समाजाच्या सेवा समर्पणाचे, सैमाचो मोग आनी गोरक्षणाच्या प्रतिबद्धतेचे कौतुक केले.

BJP Whip – 30

भारतीय जनता पक्षान आपल्या खासदारांक व्हिप जारी करून आज लोकसभेंत हाजीर रावपाचे निर्देश दिल्यात. सभाघरांत केंद्रीय अर्थसंकल्पा संबंदी वेगवेगळ्या मंत्रालयांच्या अनुदान मागणीचेर मतदान करपाची शक्यताय पळोवन व्हिप जारी केला.

DEFENCE-PROCUREMENT - 120

सरकारान टी-९० टँक खातीर १३५० हॉर्सपॉवर इंजिन, वरुणास्त्र टॉरपीडो आणि एअरबोर्न अर्ली वॉर्निंग अँड कंट्रोल एअरक्राफ्ट सिस्टमा खरेदी करपाक मान्यता दिल्या. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या अध्यक्षतेखाला काल जालल्या संरक्षण अधिग्रहण परिषदेच्या बसकेंत ही मान्यताय दिल्या. हे खरेदीचेर 54 हजार कोटी रुपया परस चड खर्च जातलो.

संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण भारतीय सैन्या खातीर टी-90 टँकांचे सध्याचे 1000 हॉर्सपॉवर इंजिनांक अपग्रेड करपाखातीर 1350 हॉर्सपॉवर इंजिन खरेदी करतले. हाका लागून झुजाच्या क्षेत्रात खास करून उंचायेचेर आशिल्ल्या

वाठारांनी ह्या टँकांची गतिशीलता वाडटली. भारतीय नौदलाखातीर झुजारी वरुणास्त्र टॉरपीडोच्या खरेदीक परिषदेन मान्यता दिली. वरुणास्त्र टॉरपीडो हो नौदल विज्ञान आणि तंत्रज्ञान प्रयोगशाळेन विकसित केलला स्वदेशी बनावटीचो जहाजावेल्यान सोडपी एंटी-सबमरीन टॉरपीडो. तशेंच भारतीय वायुसेने खातीर एअरबोर्न अर्ली वार्निंग आनी कंट्रोल एअरक्राफ्ट सिस्टीम खरेदी करपाक परिशदेन मान्यताय दिल्या.

PFRD – 60

पेन्शन निधी नियामक आनी उदरगत प्राधिकरण-पीएफआरडीएन एकीकृत पेन्शन येवजण-यूपीएस चालीक लावपा खातीर नेम जारी केल्यात.हाचे आदीं केंद्र सरकाराच्या राष्ट्रीय पेन्शन प्रणाली (एनपीएस) खाला आस्पाव आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यां खातीर अंदू जानेवारींत अधिसुचोवणी जारी केल्ली. एकत्रीत पेन्शन येवजणे संबंदीत नेम फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन लागू जातले अशें पीएफआरडीएन सांगलां. केंद्र सरकाराच्या तीन वर्गांतल्या कर्मचाऱ्यांच्या नोंदणी खातीर हे नेम प्रभावी थारतले.

Goyal – 70

४५० अब्ज डॉलर्सचे सेवा निर्यात लक्ष्य साध्य करपाखातीर सरकार आणि माहिती तंत्रज्ञान क्षेत्राकडल्यान सामूहिक वचनबद्धतेचे आवाहन वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी केला. नवी दिल्लींत जाल्ल्या नैसकॉम ग्लोबल समिट-2025 च्या उक्तावणाच्या  अधिवेशनांत उलयतना तांणी विश्वास उक्तायलो कि भारताची सेवा निर्यात 2025-26 वर्सा वेपारी निर्याती परस चड आसूं येता, जातूंत माहिती तंत्रज्ञान क्षेत्र आघाडीचेर आसतलें.  अंदू सेवा निर्यात 380 अब्ज डॉलरां वेल्यान  385 अब्ज डॉलर मेरेन वाडूंक शकता अशें गोयल हांणी सांगलें.

Food Processing – 65

सरकारान अन्न प्रक्रिया क्षेत्रा संबंदीत आपल्या वेगवेगळ्या येवजण्यां खाला 1100 वयर मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या, जाका लागून 5 लाखां वयर शेतकारांक फायदो मेळटलो. ह्या येवजण्यांनी प्रधानमंत्री किसान संपादा

येवजण, अन्न प्रक्रिया उद्देगा खातीर उत्पादन संबंदीत प्रोत्साहन येवजण आनी केंद्र प्रायोजीत पीएम फॉर्मलायझेशन ऑफ मायक्रो फूड प्रोसेसिंग एंटरप्रायझ येवजण हांचो आस्पाव जाता. अन्न प्रक्रिया उद्देग राज्यमंत्री रवनीत सिंग हांणी काल लोकसभेंत एका लेखी जापेत ही माहिती दिली.

EPFO – 95

कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटनेन (ईपीएफओ)न अंदू जानेवारींत 17 लाख 89 हजार वांगडी जोडले. डिसेंबर २०२४ च्या तुळेंत एकूण सदस्य संख्येत ही ११.४८ टक्क्यांनी वाढ जाल्या. कामगार आनी रोजगार मंत्रालयान ही वाड रोजगार संदी वाडिल्ल्यान, कर्मचाऱ्यांक मेळपी लाभा विशी वाडिल्ली जागरूकता आनी ईपीएफओन राबयलल्या परिणामकारक संपर्क उपक्रमांक लागून जाल्या अशें सांगलें. ईपीएफओच्या म्हणण्या प्रमाण जानेवारी 2025 वर्सा सुमार 8 लाख 23 हजार नवे वांगडी जोडले. नव्या पेरोल डेटा प्रमाण 18 ते 25 वर्सां पिरायेच्या गटांत 4,70,000 नवे वांगडी जोडले. तशेंच ह्याच म्हयन्यांत सुमार 2 लाख 17 हजार नवे बायलो वांगडी सामील जाल्ल्याचेंय आंकडेवारींतल्यान स्पश्ट जालां.

Vaishnaw – 120

भारत सेवा क्षेत्रांत प्रशवसनीय काम करता आनी आतां ताणें उत्पादन राष्ट्र जावपाचोय यत्न करपाक जाय अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भर दिलो. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ल्या इंडियन वेब ब्राउझर डेव्हलपमेंट चॅलेंज आनी चिप्स टू स्टार्टअप्स कार्यावळीच्या पुरस्कार सुवाळ्यांत ते उलयताले. वैष्णव हाणी पारंपारिक दृष्टिकोनात बदल घडोवन हाडपाची गरज अधोरेखित केली. भारतांत म्हायती तंत्रज्ञान क्षेत्र खूब बळिश्ट आसा, ताची येणावळ 282 अब्ज डॉलर परस चड आसा आनी आतां मेरेन सेवांचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें वैष्णव हांणी सांगलें. भारत सरकार सॉफ्टवेअर उत्पादना विकसित करपाखातीर स्टार्ट-अप्स, शैक्षणिक संस्थांक प्रोत्साहन दिता आनी भारताक उत्पादन तयार करपी राष्ट्र म्हूण विकसित करपाचो हेतू आसा अशें

तांणी सांगलें. ज़ोहो कॉर्पोरेशनाक विजेतो घोषित केलो. स्टार्टअप टीम पिंग - पयलो उपविजेतो आनी टीम अजना दुसरो उपविजेतो.

ECI – 90

वेंचणुकेची प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर फाटल्या म्हयन्यांत जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. सुमार एक कोटी वेंचणूक कर्मचाऱ्यांची क्षमता वाडोवपा खातीर सतत डिजिटल प्रशिक्षणाची येवजण आंखल्या. हातूंत वेंचणूक नोंदणी अधिकारी, जिल्लो वेंचणूक अधिकारी आनी मुखेल वेंचणूक अधिकारी ह्या पांवड्यावेल्या वेंचणूक अधिकाऱ्यां वांगडा सुमार पांच हजार सर्वपक्षीय बसकांनी राजकी पक्षांनी वांटो घेवपाचो आस्पाव जाता. 26वे मुखेल वेंचणूक आयुक्त म्हणून पदभार स्वीकारल्या उपरांत एका म्हयन्या भितर ज्ञानेश कुमार हांणी सगळ्या मतदारांचो सहभाग सुनिश्चीत करपा खातीर वेंचणूक आयुक्तां सयत पुराय वेंचणूक यंत्रणा बीएलओ पांवड्या मेरेन सक्रिय केल्या अशें आयोगान सांगलें.

MCA – 100

मुंबई क्रिकेट असोसिएशन (एमसीए) न काल क्रिकेटतले दिग्गज दिलीप वेंगसरकर आणि डायना एडुलजी हांका तांच्या खेळातल्या असाधारण योगदाना खातीर प्रतिष्ठित जीवनगौरव पुरस्कारान सन्मानित केले. वेंगसरकर आनी एडुलजी हांणी मुंबय आनी भारतीय क्रिकेटांत फकत खेळगडे म्हणून न्हय तर प्रशासक म्हणूनय मुखेल योगदान दिलां. मुंबयच्या बीकेसींतल्या शरद पवार इनडोर क्रिकेट अकादेमी आनी मनरिजवण केंद्रांत जाल्ल्या झिलमिलपी वर्सुकी पुरस्कार कार्यावळींत तांचो भोवमान जालो.

Squash – 60

आज SRFI इंडियन टूर २०२५ स्क्वॅशच्या फायनलींत आयज भारताची आकांक्षा सलुंखे आनी भारताची अनाहत सिंग हांचे मर्दी खेळ जातलो. ही मॅच दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली. आकांक्षान जोशना  चिनाप्पाक हारोवन फायनलींत आपली सुवात सुरक्षीत केली. जाल्यार 17 वर्सां पिरायेच्या अनाहटान दक्षिण आफ्रिकेंच्या  हेली वॉर्डाक उपांत्य फेरयेंत हारयले. आयज दादल्यांच्या फायनलींत भारताचो वीर चोटाराणी आनी फ्रांसाचो मेलविल स्किमानिको हांचे मर्दी खेळ जातलो.